# गोंय लोक सेवा आयोग

इडीसी हावस, ब्लॉक “C”, 1 लो माळो, दादा वैद्य मार्ग, पणजी गोंय 403001.

संकेत थळ: http://goapsc.gov.in

जायरात नं. 5 वर्स 2015

1- सकयल दिल्ल्या पदांखातीर ऑनलायन अर्ज मागयता. अर्ज भरपाची निमणी तारीख 30-04-2015 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं उमेद्वारांनी आयोगाच्या संकेतस्थळार उपलब्ध आशिल्ल्यो ‘सुचोवण्या’ लक्षपूर्वक वाचपाक जाय.

2- वेवसायीक म्हाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचलनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी/वैज्ञानीक पदांखातीर, कोंकणीचे गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार ही अट सदळ करूं येता.

3- विहीत शिक्षणीक पात्रता ही फकत किमान पात्रता आसा आनी फकत ही पात्रता आशिल्ले उमेदवार मुलाखतीक आफोवपाक दावो करपाक शकनात. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, सुचोवण्यांत नमूद केल्ले प्रमाण आयोग मुलाखतीक आफोवपाखातीर उमेदवारांची वळेरी तयार करतले.

## I - गोंय वैजकी महाविद्यालय.

### 1- किरणोत्सर्जीत उपचार पध्दत सांगाती प्राध्यापक ------------ 1 जागो

(3 री फावट)

**पगार श्रेणीः-** रु. 15,600 - 39,100 + 6,600/-

**पिरायः-** 45 वर्सां परस चड आसची न्हय.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः-**

**गरजेचेः**

i. भारतीय वैजकी मंडळ कायदो 1956 प्रमाण 1 ल्या वा 2 -या परिशिश्टात वा भाग II तल्या 3 -या परिशिश्टात (सनद सोडून) नमूद केल्ली वैजकीय पात्रता आशिल्ल्या उमेदवाराक भारतीय वैजकी मंडळ कायदो 1956 प्रमाण दुस-या भागातल्या तिस-या परिशिश्टाचे उप कलम (3) च्या 13 व्या नेमांत आस्पाविल्ल्या अटींची पुर्तताय करची पडटली.

ii. वैजकी मळावेली पदव्युत्तर पदवी वा संबंधीत विशयांतली खाशेली पदव्युत्तर पदविका वा तत्सम.

iii. संबंधीत विशयातली पदव्युत्तर पदवी घेतल्या उपरांत मान्यताय प्राप्त वैजकी म्हाविद्यालयात / वैजकी शिक्षण संस्थेत खाशेलो सहाय्यक प्राध्यापक म्हण उण्यात उणे 3 वर्सांचो अणभव जाय.
iv. कोंकणी भाशेचे ज्ञान.

**आसल्यार जाताः-** मराठी भाशेचे ज्ञान.

**2- बाल शल्य चिकित्सा सहाय्यक प्राध्यापक --------------** 1 जागो (4 थी फावट)

**पगार श्रेणीः-** रु. 15,600 - 39,100 + 6,600/-

**पिरायः-** 45 वर्सां परस चड आसची न्हय.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः-**

**गरजेचेः**

i. भारतीय वैजकी मंडळ कायदो 1956 (1956 च्या कायद्याचो अधिनेम102) प्रमाण 1 ल्या वा 2 -या परिशिश्टात वा भाग II तल्या 3 -या परिशिश्टात (सनद सोडून) नमूद केल्ली वैजकीय पात्रता आशिल्ल्या उमेदवाराक भारतीय वैजकी मंडळ कायदो 1956 (1956 च्या कायद्याचो अधिनेम102) प्रमाण भाग II तल्या तिस-या परिशिश्टाचे उप कलम (3) च्या 13 व्या नेमांत आस्पाविल्ल्या अटींची पुर्तताय करची पडटली.
ii. वैजकी मळावेली पदव्युत्तर वा संबंधीत विशयांतली खाशेली पदव्युत्तर पदविका वा तत्सम.
iii. संबंधीत विशयातली वैजकी तज्ञ (D. M.) / शल्य विशारद (M.Ch.) पदवी घेतल्या उपरांत मान्यताय प्राप्त वैजकी म्हाविद्यालयात / वैजकी शिक्षण संस्थेत संबंधीत विशय शिकोवपाचो एक वर्साचो अणभव आनी / वा आपल्या खाशेल्या विशयांत वैजकी मळार एक वर्स संशोधन केल्ल्याचो अणभव आसूंक जाय.
iv. कोंकणी भाशेचे ज्ञान.

**आसल्यार जाताः-** मराठी भाशेचे ज्ञान.

**टीपः-** जर उमेदवाराची वैजकी तज्ञ (D. M.) / शल्य विशारद (M.Ch.) ही पदवी तीन वर्सां कालावधीची आसली जाल्यार ताका एक वर्स अणभवाची गरज आसची ना.

## II - गोवा दंत म्हाविद्‍यालय आनी हॉस्पिटल.

3 - **प्रोस्टोडोंटिक्स एन्ड क्राउन एन्ड ब्रीज व्याख्यातो** -------- 1 जागो.

**पगार श्रेणीः-** रु. 15,600 - 39,100 +6,600/-

**पिरायः-** 42 वर्सां परस चड आसची न्हय.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः-**

**गरजेचेः**

i. दातां वैजकी कायदो 1948 (1948 च्या कायद्‍याचो अधिनेम 16) प्रमाण 1 ल्या वा 2 -या परिशिश्टात नमूद केल्ली पात्रता.

ii. मान्यताय प्राप्त संस्थेची दातां वैजकी मळावेली पदव्युत्तर पदवी वा संबंधीत विशयांतली खाशेली दातां शल्य चिकित्सा पदव्युत्तर पदविका वा तत्सम.

iii. उमेदवार दांत वैजकी मंडळाचो सदस्य आसूंक जाय.

iv. कोंकणी भाशेचें ज्ञान.

**आसल्यार जाताः-**

i- संबंधीत विशयातली पदव्युत्तर पदवी घेतल्या उपरांत मान्यताय प्राप्त वैजकी शिक्षण संस्थेत संबंधीत विशय शिकोवपाचो एक वर्साचो अणभव.

ii- मान्यताय प्राप्त दंत म्हाविद्‍यालय / वैजकी म्हाविद्‍यालयाचो दांत वैजकी विभाग वा दांत वैजकी शिक्षण संस्थेत निबंधक / अनुशिक्षक / वरिश्ट निवासी / निदर्शक म्हण संबंधीत खाशेल्या दांत वैजकीचो तीन वर्सांचो अणभव.

iii- मराठी भाशेचें ज्ञान.